**“शोध सुखाचो”- कोंकणी नाटक पुस्तकाचे प्रकाशन**

ता. 22 फेब्रुवारी 2022

एकदन्त क्रिएशन, फोंडे आनी गोवा मराठी अकादमी हांणी काल फोंडे हांगा आयोजीत कार्यक्रमात कुटुंबीक संबंदांचेर आदारीत “शोध सुखाचो” ह्या कोंकणी नाटकाच्या पुस्तकाचे प्रकाशन म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे म्हायती अधिकारी श्री. प्रकाश नाईक हांचे हस्तुकीं जालें. नामनेचे लेखक आनी गोंय राज्य सांस्कृतीक पुरस्कार जैतवंत श्री. मिलिंद म्हाडगूत हांणी हे नाटक बरयला.

कार्यक्रमाक नामनेच्यो फिल्म कलाकार श्रीमती अमिता नायक सलत्री, लेखक श्री. मिलिंद म्हाडगूत, कलाकार श्री. नामदेव शेट, थ्रिफ्ट को-ऑप. संघटनेचे कार्यकारी अधिकारी एस. भगत आनी एकदन्त क्रिएशनचे अध्यक्ष श्री. महादेव खानोलकर उपस्थित आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना श्री. प्रकाश नाईक हांणी कुटुंबीक संबंदांचेर आदारीत कोंकणी नाटक बरयिल्ले खातीर मिलिंद म्हाडगूत हांचे अभिनंदन केले आनी श्री. म्हाडगूत हे बहुआयामी व्यक्तिमत्व आसून कला, साहित्य आनी शिक्षणीक मळार तांचे भरपूर योगदान आशिल्ल्याचे म्हणले.

आयच्या संवसारांत सर्ती वांगडाच ताणतणाव वाडिल्लो आसून प्रत्येकान आपल्या आंगात आशिल्ल्या सर्जनशील कलेच्या माध्यमातल्यान अशा ताणतणावातल्यान भायर सरून निरोगी आनी खुशालभरीत जीण जगपाचो यत्न करपाक जाय, अशें तांणी म्हणले.

श्रीमती अमिता नायक सलत्री हांणी मिलिंद म्हाडगूत हांच्या विंगड विंगड मळावयल्या योगदानाची तोखणाय करून तांणी आपल्या जीणेत एक बहुआयामी व्यक्तिमत्व म्हूण नांव मेळयला, अशें म्हणलें . मिलिंद म्हाडगूत हांणी साबार नाटकां, फिल्मांचे लेखन केल्ले आसून “शोध सुखाचो” हे कोंकणी नाटक बरोवपा फाटली कल्पना तांणी ह्या वेळार सांगली.

नामदेव शेट हांणी “शोध सुखाचो” पुस्तकाविशीं विचार मांडले.

सुरवातीक एकदन्त क्रिएशनचे अध्यक्ष श्री. महादेव खानोलकर हांणी येवकाराचे उलवप केले आनी कु. प्राजक्ता म्हाडगूत हांणी निमाणे उपकार मानले. संदीप फडते हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/128

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji